Panaji राष्ट्रीय खबरो

१२.१०.२०२६

@ 8.40 am

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी चेन्नईतल्या आयआयटी-मद्रास हांगा आयोजित एका कार्यक्रमात तामिळनाडूत १३,००० कोटी रुपयां परस चड किमतीच्या वेगवेगळ्या विकासकामांचे उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली

शांततायेन जमपी लोकांक बेकायदेशीर रितीन ताब्यांत घेवचे ना आनी येरादारी नेम पाळून लोकांक मुक्त हालचाल करपाक मेळची हे खातीर सर्वोच्च न्यायालयान संबंदीत अधिकाऱ्यांक निर्देश दिला

२३ वर्सां सकयल जागतिक कुस्ती स्पर्धा २०२६' आयज अधिकृतपणान लास वेगासांतल्या नेवाडा विद्यापिठांतल्या 'थॉमस अँड मॅक सेंटर' हांगा सुरू जाता

मोदी

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी चेन्नईतल्या आयआयटी-मद्रास हांगा आयोजित एका कार्यक्रमात तामिळनाडूत १३,००० कोटी रुपयां परस चड किमतीच्या वेगवेगळ्या विकासकामांचे उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. या प्रकल्पांमदी रस्ते आणि रेल्वे येरादारी, बंदरांचे मुळाव्या सुविधांचे जाळे, पेट्रोलियम आणि वैज्ञानिक संशोधन हे क्षेत्र आसपावता.हे वेळार तामिळनाडूचे मुख्यमंत्री सी. जोसेफ विजय हेय उपस्थित आशिल्ले. या प्रकल्पांमदी सुमार ३,७०० कोटी रुपयांची राष्ट्रीय महामार्गाची कामा, चेन्नई बंदर, कामराजर बंदर हांगा उपक्रम, तसेच 'अमृत भारत स्टेशन योजने'अंतर्गत रेल्वे स्थानकांचो विकासाचो समावेश

आसा. तामिळनाडूत १३,००० कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचे उक्तावण जावप  ही एक इतिहासिक घटना असल्याचे प्रधान मंत्रयान सांगले. हे उपक्रम संपर्क व्यवस्था सुधारतले, उद्योग आणि व्यापाराक बळकटी दितले आणि राज्यातल्या तरणाट्यां खातीर रोजगाराच्यो संधी निर्माण करतले, असे ताणी म्हणाले. हे प्रकल्प सद चो प्रवास सुलभ करतले आणि राज्याच्या आर्थिक विकासाक चालना दितले, असेही मोदीनी नमूद केले.

मोदी 2  १८०

चेन्नयांत जाल्ल्या 'जयगोपाल गरोडिया हिंदू विद्यालय' ह्या भान्ग्रा महोत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारताच्या तरणाट्यांच्या जागतीक क्षमतायचेर भर दिलो. आयज उदेत्या आव्हानांचेर जागतीक समाज नाविन्यपूर्ण  उपाय सोदता आनी ते उपाय सोदपाची कुशळटाय आनी तांक भारतीय तरणाट्यां कडेन आसा असो आपलो ठाम विस्वास तांणी उक्तायलो. हो तरणाट्यांचो काळ हाचेर प्रधानमंत्र्यान भर दिलो. तरणाट्यांचे नाविन्यपूर्ण विचार आनी कठोर परिश्रम भारताचो आनी पुराय संवसाराचो फुडार घडोवन हाडटले अशें तांणी म्हणलें. संवसारीक समस्यांचे उपाय करपा वांगडाच प्रधानमंत्र्यान राश्ट्रीय एकचार आनी तमिळ दायजाची सासणाची बुध्दी हांचोय संदेश दिलो. 'तिरुक्कुरल' ह्या पुर्विल्ल्या तमिळ ग्रंथाचो खासा उल्लेख ताणी केलो आनी तो जीवन आनी आजीवन शिक्षणा खातीर म्हत्वाचो मार्गदर्शक आसा अशें म्हळां; आनी गिन्यानाचो संपादन आनी ताच्या वेव्हारीक उपेगाचो मेळ घालपाची गरज विद्यार्थ्यांक याद करून दिली. विद्यार्थ्यांनी व्हड सपन पळोवचें, वेगळें विचार करचें आनी निर्भय वागचें अशें तांणी सांगलें. आयज देशांत उपलब्ध आशिल्ल्या " "अफाट संदींचो" उल्लेख करून प्रधानमंत्र्यान सांगलें की, 2047 मेरेन 'विकसीत भारत' हें सपन साकार करपाक तरणाटे मुखार आसात.आधुनीक नवनिर्माण आनी सांस्कृतीक दायजा कडेन घट संबंद समतोल दवरून तरणाटे फुडारी जागतीक पावडयार वळख  तयार करूंक

शकतात आनी एक प्रगत  आनी आत्मनिर्भर राष्ट्र उबारूंक शकतात अशें ताणी परत एकदा अधोरेखित केले.

रियाध

सौदी अरेबियात रियाध विमानतळार जाल्या हल्ल्यात १२ जाणांक मरण  आयले आणि ३०० हून अधिक लोक जखमी झाले; या घडणुके उपरांत रियाधातलो भारतीय दूतावास सगळी आवश्यक पावलां उबरता अशे  परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी सांगले. या हल्ल्यात जखमीमदी ११ भारतीय आसात अशे  दूतावासान सोशल मीडियावेल्या एका पोस्टमध्ये म्हणला. जखमींच्या प्रकृतीची विचारपूस करपाक दूतावास थळाव्या प्रशासनाच्या संपर्कात आसा तसेच, जखमी भारतीयांची माहिती घेवपाक दूतावासाच्या अधिकाऱ्यांनी रुग्णालयाच्या प्रशासनाकडेय संपर्क साधला. मजगती एक भारतीय नागरिकाक मरण आयला आनी मरण आयिल्यायो आकडो १३ चेर पावला.

गोवा

परिक्षेच्या वेळार गैरप्रकार करपा खातीर वापरात येवपी  ब्लूटूथ डिव्हायस व्हरपी दोन प्रवाशांक CISF न  गोंय विमानतळाचेर धरले. ही उपकरण IIT गोवा भरती परीक्षेकडे संबंधित आसात; याप्रकरणत गुन्याव  दाखल केला

SC

शांततायेन जमपी लोकांक बेकायदेशीर रितीन ताब्यांत घेवचे ना आनी येरादारी नेम पाळून लोकांक मुक्त हालचाल करपाक मेळची हे खातीर सर्वोच्च न्यायालयान संबंदीत अधिकाऱ्यांक निर्देश दिला. तशेंच दिल्लींतल्या बॅरिकेडिंग पद्दतीचो नियाळ घेवपाक न्यायालयान सांगला आनी कायदो आनी सुवेवस्थेची परिस्थिती लक्षांत

दवरून मेट्रो सेवा सदच्या वेळापत्रका प्रमाण चलची आनी इंटरनॅट सेवा अखंड उरची हे खातीर केंद्र सरकाराक निर्देश दिला. तशेंच वकिलांक तांची वेवसायीक कर्तव्यां करपाक आडावचे न्हय अशेंय न्यायालयान निर्देश दिला. न्यायालयाच्या निर्देशांचें उल्लंघन केल्ल्यान संबंदीत अधिकाऱ्यांआड अवमानाची कारवाय सुरू करपाची मागणी करपी याचिकेचेर केंद्र सरकाराक नोटीस जारी करतना सर्वोच्च न्यायालयान सगळ्या पक्षांचे म्हणणे आयकून घेतले आनी कोणाचीच गैरसोय जावची न्हय हाची जतनाय घेतले अशें सांगलां.

सेवा

प्रधान मंत्री  नरेंद्र मोदीनी जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवेचो मंत्र आणि अविरत कटिबद्धता सांबाळत भौशिक सेवेची २५ वर्षं पूराय केल्यात. 'सेवा' आणि 'सुशासन' या दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अविरत प्रयत्नशील आसा. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, वक्फ सुदारणां वरवीं ही संकल्पना कशी वेव्हारांत हाडली हाची एक देख आमी तुमचे मुखार मांडटात.वक्फ कायद्याच्या कलम 40 खाला वक्फ मंडळाक एखादी मालमत्ता ‘वकफ’ म्हूण जाहीर करपाचो अधिकार आशिल्लो, जो चडसो स्वताच्या निर्णयाचेर आदारीत आशिल्लो. हाचो परिणाम आंकडेवारींतल्यान दिसून येता; नोंदणीकृत वकफ मालमत्तेची संख्या 2013 वर्सा 2. लाखां वयर आशिल्ली ती सुमार साडे आठ  लाखां वयर पावली, तातूंत 5,973 सरकारी मालकीची मालमत्ता आसली. उम्मीद' (UMEED) कायदो ह्या नावान वळख आशिल्ल्या  'वक्फ (सुधारणा) कायदो, २०२५' वरवी ही तरतूद रद्द केली. आतां सरकारी जमनीचेर खंयच्याय दाव्याची तपासणी जिल्हाधिकाऱ्यांपेक्षा (Collector) वरिष्ठ दर्जाच्या अधिकाऱ्यामार्फत जावप अनिवार्य आसा आनी तेच बरोबर उच्च न्यायालयांत अपील करपाची तरतूद

पयलेच खेपे उपलब्ध करून दिल्या. ह्या कायदेशीर बदला वांगडाच डिजिटलायझेशनची प्रक्रियाय चालीक राब्यतात

## कान्हा

मध्य प्रदेशांतल्या कान्हा वाग राखीव वाठारांत सुमार शंबर वर्सां उपरांत रानटी म्हशींक परतून तांच्या सैमीक रावपाच्या सुवातेर हाडपाचे यत्न सुरू आसात. आयतारा मुख्यमंत्री डॉ. मोहन यादव यांनी आठ रानम्हशींक एका लहान आवारातल्यान १७ हेक्टरचेर पसरलेल्या व्हड सुवातेर सोडले. ह्यो म्हशी आसामांतल्या काझीरंगा राश्ट्रीय उद्यानांतल्यान हाडलयात. तातूंत स मादि आनी दोन नर आसा. थळाव्या हवामानाक आनी पर्यावरणाक जुळोवन घेवपाक मदत करपाखातीर सुरवेक तांकां ल्हान आवारांत दवरील्ले. आतां तांकां तांच्या सैमीक रावपाच्या सुवातेर सोडपाची तयारी सुरू आसा. फुडल्या तीन वर्सांत कान्हा वाठारांत वट्ट 50 रानवटी म्हशी परत हाडपाचो सरकाराचो हेत आसा.

## सायकल रॅली

घुवली वखदांच्या सेवनाआड जनजागृती करपाक भाजपचे राज्यसभा खासदार डॉ. के. लक्ष्मण यांनी काल एका सायकल रॅलीत वाटो घेतलो. 'नशा मुक्त भारत - सायकल रॅली' असे या उपक्रमाचे नाव आशील्ले आणि 'अक्षर स्फूर्ती' या सामाजिक संस्थेन याचे आयोजन केले. गोशामहाल मतदारसंघांतल्या सीतारामपेटांतल्या बाला हनुमान देवळा साकून सायकलस्वारांनी प्रवास सुरू केलो. विधानसभा वाठारांतल्या सरदार वल्लभभाई पटेलाच्या पुतळ्या मरेन सायकल चलोवन तांणी आपलो प्रवास पुराय केलो.

कुस्ती

२३ वर्सा सकयल जागतिक कुस्ती स्पर्धा २०२६' आयज अधिकृतपणान लास वेगासांतल्या नेवाडा विद्यापिठांतल्या 'थॉमस अँड मॅक सेंटर' हांगा सुरू जाता आनी ती ह्या म्हयन्याच्या १८ तारखे मेरेन चालू उरतली. 'संवसाराची मनरिजवण राजधानी' अशें मानतात त्या शारांत संवसारांतले 600 परस चड मुखेल तरणाटे कुस्तीगीर हे सर्ती खातीर जमल्यात. थंय खेळगडे ऑलिंपिकांतल्या तिनूय विशय ग्रीको-रोमन, बायलांचो फ्रीस्टाइल आनी दादल्यांचो फ्रीस्टाइल 30 वजनी गटात आपली कुशळटाय परिक्षा दितले -ही एक म्हत्वाची सर्त, आनी अमेरिकेंत 'अंडर-23 वर्ल्ड रेसलिंग चॅम्पियनशिप' जावपाची ही पयलीच खेप. तशेंच 2015 उपरांत अमेरिकन भूयेचेर जावपी ही पयली 'पिराय आदारीत संवसारीक कुस्ती सर्त'.

क्रिकेट

काल रातीं इंदूरच्या होळकर स्टेडियमांर जाल्ले तिसरे टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळात भारतान वेस्ट इंडीजाक 14 धांवड्यांनी हारयले.

वेदर

आयज सकाळीं नवी दिल्लीत कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणात पावस पडलो. भारतीय हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण राष्ट्रीय राजधानीत फाल्यां मेरेन विजांच्या कडकडाटासयत वादळी हवामानाची स्थिती कायम उरतली. हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, हिमाचल प्रदेश आनी छत्तीसगडांत वीज आनी वादळी वारया सयत गडगडपाचो अदमास आसा